Akashvani Panaji Goa

National 8.40 AM 09.04.24

---

मुखेल खबरो:

- ईशान्य ही नव्या भारताची सगळयात व्हड यशोगाथा म्हूण उदैताक आयल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा.

- प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे जेष्ट फुडारी नरेंद्र मोदी आयज मध्यप्रदेशाच्या बालाघाटात रेली आनी तामिलनाडूतल्या चेन्नयत रोड शो करतले.

- अबकारी कर धोरणा संबंदीत पयशे लुटपाच्या प्रकरणांत अंमलबजावणी संचालनालयान दिल्लीचे मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवालांचे वैयक्तीक सहाय्यक आनी आप आमदारांची केली चौकशी.

- चैत्र शुक्ल, उगादी, गुढीपाडवा, चेटीचंद, नवरेह आनी साजिबू चेईराओबा परब आयज भक्तीभावान मनयतात.

- चीनातल्या निंगबो हांगा आयजसावन बॅडमिंटन आशिया चॅम्पियनशिप- 2024 सर्तीक सुरवात जातली.

- आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल जाल्ल्या खेळात चेन्नई सुपर किंग्ज पंगडान कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडाचेर 7 गड्यांनी जैत जोडले.

पी एम ईशान्य ७०

ईशान्य ही नव्या भारताची सगळयात व्हड यशोगाथा म्हूण उर्दताक आयल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. काँग्रेस सरकारच्या तुळेन फाटल्या पाच वर्सात ईशान्येच्या उदरगतीखातीर गुंतवणूक निधीचे वाटप सूमार चार पटीन वाडला, अशेंय तांणी सांगले. एका खबरापत्राक दिल्ल्या मुलाखतीत श्री मोदी हांणी सांगले की फाटल्या दसकात ह्या वाठारातली मुळाव्या सुविधांच्या उदरगतीक लागून ईशान्य वाठार देशांकडेन जोडलो. देशातले पयले खेळा विद्यापीठ मणिपूरात उक्ते केले आनी सरकार ईशान्येतल्या आठ राज्यांनी दोनशेपरस चड स्पोर्ट्स इंडिया केंद्रा स्थापन करतले अशेंय प्रधानमंत्र्यानी सांगले.

M-MP RALLY 140

लोकसभा वैचणुकेच्या पयल्या आनी दुसऱ्या पांवड्या खातीर मध्य प्रदेशांत स्टार प्रचारकांच्यो रॅली नेटान सुरु आसात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बालाघाटात रॅलींत उलोवप करतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तीन दिसांत दुसरे खेपे मध्य प्रदेशांत रॅली घेतात. ताणी आयतारा जबलपूरांत रोडशोचें फुडारपण केलें. प्रधानमंत्री मोदी आयज दनपारां बालाघाटांतल्या उत्कृष्ट मैदानांत भौशीक रॅलीत उलोवप करतले. नक्सल बाधित ह्या वाठारांत प्रधानमंत्र्याचे रॅली खातीर व्हड प्रमाणांत सुरक्षा वेवस्था केल्या.

दुसरे वटेन काँग्रेसीचे वडिल फुडारी राहुल गांधी हाणी मध्य प्रदेशांत आपली मोहीम सुरू केली आनी काल सिओनी आनी शहडोले हांगा दोन रॅलींत उलोवप केरून काँग्रेसीच्या घोशणापत्रांत दिल्ल्या उत्तरांचो उल्लेख केलो. भाजपा आनी काँग्रेस सयत सगल्या पक्षांचे फुडारी पयल्या पांवड्यावेल्या वेचणुकेखातीर खर प्रचार करतात. मजगतीं, दुस-या पांवड्यार मध्य प्रदेशांतल्या सात लोकसभा मतदारसंघां खातीर 88 उमेदवार वेचणूक रिंगणांत आसात. उमेदवारी फाटीं घेवपाच्या निमाण्या दिसा काल 5 उमेदवारांनी आपलीं नांवां फाटीं घेतलीं. दुसर् या टप्प्या खातीर मतदान 26 एप्रीलाक जातले.

## प्रधानमंत्री तामिळनाडू दौरो ९०

प्रधानमंत्री आनी भारतीय जनता पक्षाचे ज्येष्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी आयजसावन तामिळनाडूच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार वतले. मोदी आयज चेन्नईत रोड शो आनी आनी फाल्या दोन भौशिक सभा घेतले. दक्षिण चेन्नई आनी मध्य चेन्नई वाठारात सांजे 6 उपरांत रोड शो जातलो. भाजपच्या तमिलसाई सुन्दराजन दक्षिण चेन्नई लोकसभा मतदारसंघातल्यान तर पक्षाचे विनोद पी सेल्वम मध्य चेन्नई मतदारसंघातून डी एम केचे उमेदवार दयानिधी मारन हांच्या आड वेचणूक रींगणात आसात. आयज वेल्लोरच्या भौशिक सभेत, श्री मोदी उलोवप करतले. त्याउपरांत प्रधानमंत्री मेडुपलायम हांगा जाहीर सभा घेतले. तामिळनाडूत लोकसभेच्या 39 सुवातांखातीर 19 एप्रिलाक मतदान जातले.

## केजरीवाल - ७०

अबकारी कर धोरणा संबंदीत पयशे लुटपाच्या प्रकरणांत अंमलबजावणी संचालनालयान दिल्लीचे मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवालाचे वैयक्तीक सहाय्यक विभव कुमार आनी आप आमदार दुर्गेश पाठक हांची चौकशी केल्या. तांचे विधान प्रिव्हेन्शन ऑफ मनी लाँडरिंग कायद्याच्या तरतुदी खाला नोंद केल्यात अशें सूत्रांनी सांगलें. 2021-22 वर्सा गाँय विधानसभा वैचणुके खातीर आम आदमी पक्षान केल्ल्या प्रचाराच्या संदर्भात श्री पाठक हांची चवकशी जाली. दक्षिण गटान दिल्ल्या 100 कोटी रुपयांच्या लांचेपेकी सुमार 45 कोटी रुपया आप कंपनीन गोंय विधानसभा वैचणुकेच्या प्रचाराक वापरिल्ल्याचो आरोप संचालनालयान केला.

## राहुल गांधी - १००

काँग्रेसचे ज्येष्ठ फूडारी राहुल गांधी हांणी काल मध्य प्रदेशातल्या तांच्या प्रचाराक सुरुवात करून आदिवासी वाठार सिवनी आनी शहडोल हांगा दोन जाहीर सभेत उलोवप केले. राहुल गांधींनी आपल्या भाषणात काँग्रेसच्या जाहीरनाम्यांत दिल्ल्या उतरांचो उल्लेख केलो. शेतकाऱ्यांची कर्जमाफी, एमएसपी लागू करप, महालक्ष्मी येवजणे अंतर्गत बायलांक वासुकी 1 लाख रुपये दिवप आनी तरनाट्यांखातीर प्रशिक्षणार्थी येवजण सुरु करपाची घोषणा तांणी हेवेळार केली. काँग्रेस सरकार अग्निवीर येवजन बंद करतले अशें तांणी सांगले. कंत्राटी नोकरीची पद्धत काडून उडोवपाचे आश्वासन लेगित राहुल गांधीनी हेवेळार दिले. श्री. गांधी यांनी

एससी आनी एसटी शिष्यवृत्ती दुपेटीन वाडोवप आनी 0 आदिवासी प्रधान वाठारांनी सवी अनुसुची चालीक लावपा विशींय राहुल गांधी हेवेळार उलयले.

## आसाम प्रचार १००

आसामातल्या मतदारांक आकर्षित करपाहेतान व्हड-व्हड राजकी फुडारी राज्यात येवपाक लागल्यात. घरमंत्री आनी भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी अमित शहा आयज दनपारा उत्तर लखीमपूरात जाहीर सभेत उलोवप करतले आनी सांजे तिनसुकियात रोड शो करतले. ह्या महिन्याच्या १९ तारखेक हांगा मतदान जातले. आसामचे मुखेलमंत्री हिमंता बिस्वा सरमा, केंद्रीय मंत्री सर्बानंद सोनोवाल आनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष भाबेश कलिता नेटान प्रचार करीत आसात. प्रदेश काँग्रेस अध्यक्ष भूपेन बोरा, खासदार गौरव गोगोई आनी प्रद्युत बोरदोलोई लोकांचो तैंको मेळोवपाखातीर खर यत्न करीत आसात. आम आदमी पक्षाच्यो फुडारी आतिशी हांणी दुलियाजानात तांच्या पक्षाच्या उमेदवाराखातीर रोड शो 0 केलो. आसामात पयल्या पावंड्यार पाच सुवातांचेर मतदान जातले आनी त्याखातीर ३५ उमेदवार रिंगणात आसात.

## धानमंत्री चंद्रपूर 145

राश्ट्रीय लोकशाय आघाडी सरकाराच्या संगीत यत्नांक लागून फकत महाराष्ट्रांतच न्हय तर पुराय देशांत नक्सलवाद दुबळो जाला अशें भाजपाचे वडिल फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी चंद्रपुरांत आयोजीत केल्ल्या रेलींत सांगले. काल चंद्रपूरच्या मोरवा विमानतळ मैदानाचेर चंद्रपूर आनी गदाचिरोली ह्या लोकभा मतदारसंघांतल्या भाजपा उमेदवारांच्या प्रचारा खातीर भौशीक रॅलीत प्रधानमंत्री मोदी लयताले. नक्सलवादाक लागून नामना मेळिल्ली गडचिरोली आतां स्टील उद्देगा खातीर आनी उदरगती खातीर वळखतात अशे ताणी सांगले.

समाजांतल्या वंचित वर्गाच्या उदरगती खातीर केंद्र सरकारान केल्ल्या वावराचेर भर दितना तांणी सांगलें 80 कोटी लोकांक फुकट रेशन मेळटा, 50 कोटी वयर लोकांक 5 लाखां मेरेन फुकट उपचार मेळटात आनी अशा सगळया कल्याणकारी येवजण्यांचो फायदो घेवपी लोकांमदी वंचित वर्ग आनी आदिवासी लोकांचो आसपाव आसा. आदल्या राज्य सरकारान केंद्र सरकाराच्या दरेका उदरगत प्रकल्पाक तशेच राज्याच्या उदरगतींत आडमेळी निर्माण केली अशे विरोधी काँग्रेसीचेर खर टीका करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. ह्या वेळार मुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे, उपमुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हाजीर आशिल्ले.

## आतंकवाद हल्लो ४०

काश्मीर देगणांत काल सांजेवेळार दक्षिण काश्मीरांतल्या शोपियान जिल्ह्यांतल्या हीरपोरा वाठारांत आतंकवाद्यांनी केल्ल्या फारपेटात टॅक्सी चालक जखमी जालो. हे घडणुके उपरांत सुरक्षा दळान पुराय वाठारात घेराव घालून घडणुकेंत आस्पावित आशिल्ल्या आतंकवाद्यांक अटक करपा खातीर सोद कारवाय सुरु केल्या अशें पुलीस म्हणया-यान सांगलें.

## स्वसार पाडवो SUBHASH 130

आयज संवसार पाडवो. हिंदू पंचांगाप्रमाण आयज नवें वर्स सुरु जाता. देशात बेसन चैत्र शुद्ध प्रतिपदा म्हळयार नव्या वर्साचो पयलो दिस. साडेतीन म्हुर्तातलो हो 'एक' शुभ म्हूर्त अशें मानतात. आयजसावन शालीवाहन शक १९४६ 'क्रोधी' नाम संवत्सर सुरु जाता. आयज सकाळी गुढी पूजन करून ह्या दिसाच्यो कार्यावळी सुरु जातात. शुभ म्हूर्त आशिल्या कारणान घरप्रवेश, नवी आस्थापनां सुरु करप, नव्या प्रकल्पांची पायाभरणी करप • नवो धंदो वेवसाय सुरु करप अशी कितलींशींच कामां फाल्याचो दिस बरो मानून सुरु जातात. चैत्र शुद्ध प्रतिपदा ते चैत्र शुद्ध नम अशें णव दिस रामनवरात्र मनयतात. आयजसावन रामांच्या तशेंच हेर देवळांनी रामनवरात्रोत्सवाच्यो कार्यावळी सुरु जातल्यो. भजन कीर्तन नामस्मरण अश्या कार्यावळींचो तांतूत आसपाव जाता. वर्षभरात हिंदू पंचागां प्रमाण साडेतीन म्हूर्त शुभ मानतात. तातूंत आयजचो संवसार पाडवो-एक दसरो-एक, अक्षय्य तृतिया-एक आनी गोरवांचो पाडवो म्हळयार कार्तिक शुद्ध प्रतिपदा-अर्धो अशें मेळून साडेतीन म्हूर्त.

## गुडीपाडवा परबी - ९०

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हांणी चैत्र शुक्ल, उगादी, गुढीपाडवा, चेटीचंद, नवरेह आनी साजिबू चेईराओबाची देशवासियांक परबी भेटयल्या.

हो सण म्हळयार भारतीय नववर्साचे स्वागत करपाची एक संद आसा अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी म्हळे. देशाच्या वेगवेगळया वाठारात हो सण मनयतात. ह्या सणावरवी शांतीकाय, सौहार्द आनी सहिष्णुतेचो संदेश मेळटा अशेंय राश्ट्रपतीनी सांगले.

वेगवेगळया नावांनी मनोवपी ह्या सणांक समान महत्त्व आसा आनी हो सण भारताच्या वेगवेगळया वाठारात पारंपरिक नववर्साचे प्रतीक आसा, अशें उपराश्ट्रपती जगदीप धनखड हांणी म्हळे. हे नवे वर्स सगल्यांच्या जीणेत समृद्धी आनी खोस घेऊन येवचो, अशीय आस्त उपराश्ट्रपतीनी उक्तायली.

## बॅडमिंटन - ८०

चीनमधील निंगबो हांगा आयजसावन बॅडमिंटन आशिया चॅम्पियनशिप- 2024 सर्तीक सुरवात जातली. एचएस प्रणॉय, किदाम्बी श्रीकांत, लक्ष्य सेन, पीव्ही सिंधू आनी हेर स्टार बेडमिंटन खेळगडे भारतीय दलाचे प्रतिनिधित्व करतले. ह्या चॅम्पियनशिप सर्तीतल्यादादल्यांच्या एकोड्या गटात एचएस प्रणॉय चीनच्या लू गुआगझू आड जातलो, तर किदाम्बी श्रीकांत पयल्या फेरीयेत इंडोनेशियाच्या एंथोनी गिनटिंग आड खेळतलो. लक्ष्य सेन शी यू क्यूई आड आनी प्रियांशू राजावत मलेशियाच्या ली झी आड खेळटलो. बायलांच्या एकोड्या गटात पीव्ही सिंधू पयल्या फेरीयेत मलेशियाच्या गोह जिन वेई आड खेळतली. दादल्यांचे दोट्टी गटातले तशेच बायलांच्या दोट्टी गटातले खेळ लेगित जावपाचे आसात

**क्रिकेट - १००**

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल चेन्नईच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमाचेर जाल्ल्या खेळात चेन्नई सुपर किंग्ज पंगडान कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडाचेर 7 गड्यांनी जैल जोडले. पयली फलंदाजी करताना कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान निर्धारित 20 षटकांत 9 बाद 137 धावंड्यो केल्यो. कोलकाताकडल्यान श्रेयस अय्यर हांणे सगळयात चड 34 धावंड्यो केल्यो. चेन्नईच्या तुषार देशपांडे आनी रवींद्र जडेजान दरेकी 3 तर मुस्तफिझूर रहमान हांणे 2 गडे बाद केले. उपरांत 138 धावंड्यांचे मोख चेन्नई पंगडान 17.4 षटकात हुंपले. कर्णधार रुतुराज गायकवाड हांणे नाबाद 67 धावंड्यो केल्यो. आयज चंदीगडातल्या महाराजा यादवेंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमाचेर पंजाब किंग्ज पंगडान सनरायझर्स हैदराबाद पंगडा आड जातलो. हो खेळ सांजे 7.30क सुरू जातलो.